**वेंचणूक जाहिरातींच्या प्रमाणिकरणा खातीर समिती**

ता. 13 जानेवारी 2022

विधानसभा वेंचणूक लडपी उमेदवार, राजकीय पक्ष, संस्थां/संघटनांच्यो जाहिरातीं माध्यमांवयल्यान प्रसारीत करचे पयली अशा जाहिरातींचे प्रमाणिकरण आनी देखरेख दवरपाखातीर उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी आनी निर्वाचन अधिकाऱ्यांच्या कार्यालयान मिडिया सर्टिफिकेशन आनी देखरेख समिती स्थापन केल्या.

प्रत्येक नोंदणीकृत राष्ट्रीय आनी राज्य राजकीय पक्ष आनी प्रत्येक वेंचणूक लडोवपी उमेदवारान प्रिंट मिडिया, इलेक्ट्रॉनिक मिडिया, समाज माध्यमां आनी दूरदर्शन वाहिनीवयल्यान जाहिराती दाखोवच्या पयली ह्या समितीकडल्यान जाहिरातीखातीर प्रमाणिकरण घेवपाक जाय. जाहिराती प्रसारीत करच्या आदी सात दिसांपयली लेखी अर्ज करून सर्टिफिकेशन मेळोवपाक जाय. सर्टिफिकेशन समिती जाहिरात अर्जाचेर तीन दिसाभितर निर्णय घेतली. सर्वोच्च न्यायालयाच्या मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण जाहिरात प्रसारीत करपाक योग्य आसत जाल्यार समिती मान्यताय दितली. अर्जावांगडा जाहिरातीच्या मजकूराच्यो दोन प्रती जोडपाक जाय.

तशेंच सगळ्या प्रिंट, इलेक्ट्रॉनिक, समाज माध्यमांनी आनी दूरदर्शन वाहिन्यांनी जाहिरातीखातीर सर्टिफिकेशन आसले बगर जाहिराती प्रसारीत करच्यो न्हय. अशा माध्यमांनी प्रमाणिकरणाचो आग्रो धरचो. तशेंच अशां जाहिरातींचो दिसपट्टो अहवाल विहित नमुन्याप्रमाण northgoa.mcmc@gmail.com ह्या ई-मेल आयडीवयल्यान एमसीएमसी च्या नोडल अधिकाऱ्याक सुपूर्द करपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/43

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji